**<u>साळगांवकर कायदो महाविद्यालयाक अभिरूप न्यायालय सर्तीत जैत</u>**

ता. 25 ऑक्टोबर 2022

मडगांवच्या जी. आर. कारे कायदो महाविद्यालयान आयोजीत केल्ल्या डॉ. कार्मो डिसौझा यादस्तीक अभिरूप न्यायालय सर्तीत मिरामारच्या व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयांच्या पंगडांक पयले आनी दुसरे इनाम फावो जाले.

जैतवंत पंगडात सिध्दांत शेट्ये, राहुल राव आनी सलोनी परब जाल्यार उपजैतवंत पंगडात गौतमी कामत, रिध्दी मोघे आनी साक्षी वळवयकार हांचो आस्पाव आशिल्लो. राहुल राव हांका सर्तीचे उत्कृश्ट वकील म्हूण इनाम फावो जाले.

मुंबय उच्च न्यायालय, गोंयचे न्यायाधिश महेश एस सोनक आनी न्यायाधिश वाल्मिकी मिनेझीस हे सर्तीच्या अंतीम फेरीचे परिक्षक आशिल्लें. न्यायाधिश महेश एस सोनक हांचे हस्तुकीं जैतवंत पंगडांक इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/662

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji